**<u>विधानसभा अधिवेशन काळांत जमाव बंदी</u>**

ता. 23 मार्च 2021

उत्तर गोंय जिल्हा पुलीस अधिक्षकान ता. 24 मार्च 2021 दिसा सूरू जावपी गोंय विधानसभा अर्थसंकल्पी अधिवेशनाच्या फाटभुंयेर पर्वरी आनी पणजी पुलीस स्टेशनाच्या हद्दीत जमाव बंदीचो आदेश जारी केला आनी विधानसभा प्रकल्पा सरभोवतणच्या 500 मिटर वाठारांत आनी पणजी पुलीस स्टेशनाच्या हद्दीत भौशीक जागो वा रस्त्यार सभा घेवपाक, मोर्चा, रॅली, मिरवणूक काडपाक, धरणे धरपाक आदी खातीर बंदी लागू केल्या. मिरवणूक, मोर्चा, धरणे आंदोलन करपाक सोदप्यांनी जिल्हा पुलीस अधिक्षकाकडल्यान  पुर्व परवानगी घेवपाक जाय. हो आदेश विधानसभा अधिवेशन सोपमेरेन लागू उरतलो, अशें आदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/338

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji